# <u>कला आनी संस्कृती खात्याची माटोळी आनी देखावो सजावट सर्त</u>

ता. 4 ऑगस्ट 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दर वर्सा चवथी निमतान आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सजावट सर्त जाहीर केल्या. वैयक्तिक कुटुंबांखातीर माटोळी सजावट सर्त 29 ऑगस्ट ते 1 सप्टेंबर 2025 मेरेन आयोजीत करपात येतली. जाल्यार देखावो सादरीकरण सर्त गोंय राज्यातल्या नोंदणीकृत भौशीक गणेश उत्सव मंडळांखातीर 2 ते 6 सप्टेंबर मेरेन आयोजीत करपात येतली. सर्तीच्या जैतिवंतांक प्रशस्तीपत्र आनी रोख इनामां भेटोवपात येतली.

ह्या सर्तीचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन पाटो, पणजी-गोंय, ( फोन नं. 0832-2404640/636/638), रविंद्र भवन – मडगांव, रविंद्र भवन – कुडचडे, रविंद्र भवन – साखळी, रविंद्र भवन – बायणा- वास्को, रविंद्र भवन, काणकोण आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा 4 ऑगस्ट 2024 सावन उपलब्ध आसतले. तशेंच अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या www.artandculture.goagov.in ह्या संकेत थळाचेरय उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 18 ऑगस्ट 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळेत स्वीकारले. सर्तीचे नेम आनी हेर म्हायती अर्ज नमुन्यात नमुद केल्ली आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/657

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.